सुनापरान्त
पणजी, गोंय

पान संपादन श्यामगावडे | मांडावळ अमोल कामत



# स्नेडर इलेक्ट्रिकाच्या संवसारीक पर्यावरण सप्तकाक उपाट प्रतिसाद




**पर्यावरण सप्तक समारोप सुवाळ्या वेळार मुखेल सोयरी तारा केरकार, खास आमंत्रीत डॉ. वल्लभ धायमोडे, सुनील शेट, सुरेश परब, हेर मानेस्त आनी कंपनीचे कर्मचारी**

**खबरां मेज, पणजी**

स्नेडर इलेक्ट्रिक इंडिया प्रायव्हेड लिमिटेड कंपनी, वेर्णा, गोंय हे कंपनीन हालीच संवसारीक पर्यावरण सप्तक मनयलो.

हें कार्यावळीत कंपनीचे कर्मचारी, चालक हांणी उमेदीन वांटो घेवंन हे कार्यावळीक उपाट प्रतिसाद दिलो.

स्नेडर इलेक्ट्रिक हें कंपनीन गोंय येरादारी पुलिसांचे मजतीन जाग्रुताय कार्यावळीचे आयोजन केल्लें. हें कार्यावळी मजगती दुचाकी, चारचाकी चलोवप्यां मदी कंपनीन गोंय येरादारी पुलिसांचे मजतीन जाग्रुताय केली. स्नेड इलेक्ट्रिकाच्या ह्या उपक्रमाची लोकांनी तोकणाय केली.

ह्या सप्तका मजगती स्नेडर इलेक्ट्रिक कंपनीन वेर्णा आनी नागोवा गांवात प्लास्टिक हटाव मोहिमेचे आयोजन केल्लें. हे प्लास्टिक हटाव मोहिमेंत वेर्णा पंचायतीची सरपंच लॉरेन्सा एन्ड्रो ई गामा आनी नागोवा पंचायतीचो सरपंच फ्रेन्की वालीस हांणी येवकार दिलो आनी स्नेडर कंपनीच्या उपक्रमाची तोकणाय केली.

हें कंपनीन आपल्या कर्मचाऱ्या खातीर खास जाग्रुताय कार्यावळीचेय आयोजन केल्लें.

कंपनीच्या गो ग्रीन कार्यावळीक उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो. गो ग्रीन कार्यावळीक मुखेल सोयरी म्हूण नगरसेविका तारा केरकार आनी खास आमंत्रीत म्हूण डॉ. वल्लभ डायमोडकार आनी सुनिल शेट हे मानेस्त हाजीर आशिल्लें,